**<u>कला आनी संस्कृती खात्याचे राज्य सांस्कृतीक पुरस्कांर जाहीर</u>**

ता. 12
नोव्हेंबर 2021

गोंय सरकाराच्या कला आनी संस्कृती संचालनालयांन 2021-22 वर्सा खातीरचे राज्य सांस्कृतीक पुरस्कार जाहीर केल्यात. कला आनी संस्कृती संचालनालयावतीन साहित्य, संगीत, नाटक, तियात्र, चित्रकला, छायचित्रण, लोकसंगीत, लोककला, हस्तकला, भजन, किर्तन, चित्रपट अशां मळार उत्कृश्ट योगदान दिवपी ज्येश्ठ व्यक्तिंचो ह्या पुरस्कारांन सन्मान करतात. तशेंच सांस्कृतीक गटात 2021-22 वर्साच्या पुरस्काराखातीर महाशाला कला संगम, माशेल ह्या संस्थेची निवड जाल्या.

2021-22 च्या राज्य सांस्कृतीक पुरस्काराखातीर 14 ज्येश्ठ व्यक्तिंची निवड केल्या. पुरस्कार जैतवंतांमदीं रमेशचंद्र कोलवाळकर, बार्देस (साहित्य), मिलींद मनोहर म्हाडगुत, फोंडें (साहित्य), साजू उर्फ मनोहर नाईक, फोंडें (भारतीय संगीत), बाल्ताझार फर्नांडिस, तिसवाडी (पश्चिमी संगीत), लेस मिनेझीस, तिसवाडी (नाटक), गुरूदास गाड, फोंडें (नाटक), श्रीमती बियात्रिस जोसेफीन फर्नांडिस उर्फ बेटी नाज साश्ट (तियात्र), जुजे लुईस दियोग फर्नांडिस, तिसवाडी (तियात्र), विलीएम फर्नांडिस, केपे (तियात्र), श्रीमती फातिमा डिसौजा, साश्ट (तियात्र), ह. भ. प. गजाननबुवा नाईक उर्फ के. के. नाईक, फोंडें (किर्तन), परशुराम काणकोणकर, तिसवाडी (भजन), झिलू लक्ष्मण गांवकर, दिवचल (लोककला) आनी संजय हरमलकर, बार्देस (चित्रकला) हांचो आसपाव आसा.

व्यक्तिगत पुरस्कार रोख 1,00000/- रूपया, प्रशस्तीपत्र, शाल, श्रीफळ आनी यादस्तीक अशां स्वरूपात भेटोवन सन्मान करतात. आसा. उत्कृश्ट संस्था पुरस्कार रोख 3,00000/- रूपया, प्रशस्तीपत्र आनी यादस्तीक स्वरूपात भेटयतात. हे पुरस्कांर खास सुवाळ्यात भेटयतले. सुवाळ्याची तारीख उपरांत कळयतलें.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/944

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji